**सर्त प्रवेश परिक्षांची तयारी करपा खातीर शिक्षण संचालनालयाची एम्बाईब वांगडा भागीदारी**

पणजी: 12 मे, 2020
वैशाख 22, 1942

हे वर्सा गोंय सीईटी, जेईई आनी एनईईटी (नीट) हे फुडें धुकल्ल्यात आनी आतां जुलयाच्या तिसर्या म्हयन्यात घेवपी परिक्षेच्या तयारी खातीर थेट लेक्चराक हजर रावनासतना विद्यार्थ्यांक मजत करपा खातीर सरकारान नवो मार्ग सोदून काडला. देशांत कोविड-19च्या पार्श्वभूमीचेर लागू आशिल्ल्या लॉकडावनाक लागून विद्यार्थ्यांक ह्या परिक्षेची तयारी करपाक चड वेळ मेळटलो.

शिक्षण संचालनालयान कृत्रीम बुद्धिमत्तेच्या (Artificial Intelligence) आदाराचेर कार्यरत आशिल्ल्याक शिकप, सराव करप आनी चांचण्या खातीर एक ऑनलाईन व्यासपीठ म्हूण कार्यरत आशिल्ल्या एम्बाईब (Embibe) वांगडा भागिदारी केलां. कांय महिन्यां पयलीं पुराय राज्यांतल्या यत्ता धावेच्या विद्यार्थ्यां खातीर एम्बाईबच्या पर्सनलाईज्ड ऍडेप्टिव लर्निंग प्लॅटफॉर्माचेर घेवपी एका चांचणी द्वारा ह्या भागिदारीक सुरूवात जाली. ह्या चांचणी द्वारा, सरकारी तशेच सरकारी अनुदानीत विद्यालयांतले सुमार 22,000 विद्यार्थ्यांक ते खातीर विशेश क्षेत्रांत आवश्यक आशिल्ली सुदारणां, ते विकसीत करप आनी शिक्षकांनी ह्या मुद्यांचेर भर दिवन बोर्डाच्या परीक्षेंतले गूण सुदारप ह्या विशयाचेर मार्गदर्शन केले.

ह्या संकटाच्या काळांत जे वेळार विद्यार्थ्यांक मजत करपाची चड गरज आसा, ते वेळार ह्या भागीदारीचो लाव सद्याच्या लॉकडावनाक लागून वर्गांत वचपाक मेळना तांका राज्यातले अभियांत्रिकी आनी वैजकीय शिक्षणां खातीर उत्सूक आशिल्ल्या उच्च माध्यमीक विद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांक घेवपाक मेळटलो. आपल्या घराच्या सुरक्षीत वातावरणांतल्यान विद्यार्थ्यांक चड बरे तरेन शिकपाक मेळचे, हे खातीर शिक्षण संचालनालया तर्फे एम्बाईबच्या सहकार्यान, भावी अभियांत्रिकी आनी वैजकीय प्रवेश परीक्षां खातीर तयारी करपाक एम्बाईबचो वापर करप्या विद्यार्थ्यांक मजत मेळटली.

राज्यातले सरकारी आनी सरकारी अनुदानीत उच्च माध्यमीक विद्यालयांतले विज्ञान शाखेंतल्या विद्यार्थ्यांक ह्या उपक्रमाचो लाव घेवपाक मेळटलो. ह्या सराव चाचण्यांच्या माध्यमातल्यान विद्यार्थ्यांक परिक्षेचो अणभव तर घेवपाक मेळटलोच, पूण तेच वांगडा ते खंय कमी पडटात ते लेगीत पळोवपाची तांका संद मेळटली आनी ताचेर मात करपा खातीर वेगळी सत्रां आयोजीत करतले. एप्रील महिन्याच्या सुरूवातेक सरकारी उच्च माध्यमीक विद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर सराव चांचण्यो

घेतिल्यो. ही सुविधा आतां सरकारी अनुदानीत विद्यालयांच्या विद्यार्थ्यां खातीर लेगीत उपलब्ध केल्ली आसा. 12 मे साकून मॉक टेस्ट्स सुरू जाल्यात.

डीआय/एनबी/पीएन/एनपी/पीएन/2020/1979

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA